गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी गोंय

सरकारी पत्रक

**आर-एएनएम नर्सिंग अभ्यासक्रम प्रवेश**

**अर्थीक मागास वर्ग जाग्यांखातीर नवीन अर्ज मागल्यात**

ता. 11 सप्टेंबर 2019

भलायकी सेवा संचालनालयाच्या भलायकी शिक्षण मंडळान बांबोळी हांगाच्या नर्सिंग शिक्षण संस्थेतल्या 2019-2020 वर्साच्या उजळणी ऑग्झिलियरी नर्स मिडवायफ (आया) अभ्यासक्रमातल्या अर्थीकरीत्या मागास वर्ग राखीव रिकाम्यां जाग्यांच्या प्रवेशाखातीर नवीन अर्ज मागयल्यात. अर्जदारान अर्जावांगडा मामलेदाराकडल्यान घेतिल्लो ग्राह्य येणावळ आनी मालमत्ता दाखलो जोडपाक जाय.

म्हायती पुस्तीका ता. 9 सप्टेंबर 2019 सावन कामाच्या व� � ळेत (सकाळी 10.00 ते सांजेची 4.00 वरांमेरेन) बांबोळी हांगा नर्सिंग शिक्षण संस्थेच्या कार्यालयांत विकपाक उपलब्ध आसा. चड म्हायती खातीर www.dhsgoa.gov.in. ह्या संकेतथळार पळोवचे.

अर्थीकरीत्या मागास वर्गाखातीर राखीव आशिल्ल्या आर-एएनएम नर्सिंग अभ्यासक्रमाच्या रिकाम्या जाग्यांच्या प्रवेशाखातीर पुराय भरिल्ले अर्ज ता. 13 सप्टेंबर 2019 दिसा सांजेच्या 4.00 वरांमेरेन आवश्यक दाखल्यांसयत स्विकारतले.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 2019/563

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA